## प्रधानमंत्री राष्ट्रीय बाल शक्ती आनी बाल कल्याण पुरस्काराखातीर अर्ज करपाक मुदत वाड

ता. 24 सप्टेंबर 2019

केंद्र सरकारच्या बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्रालयावतीन गुणवान भुरगीं, उत्कृश्ट कार्य करपी व्यक्ती आनी संस्थांक दिवपात येवपी प्रधानमंत्री राष्ट्रीय बाल शक्ती आनी बाल कल्याण पुरस्काराखातीर ऑनलायन अर्ज करपाक 30 सप्टेंबर 2019 मेरेन मुदत वाडयल्या.

हे पुरस्कार बाल शक्ती पुरस्कार आनी बाल कल्याण पुरस्कार अशा दोन वर्गांनी दितात. बाल शक्ती पुरस्कार नवनिर्मिती, विदवत्ता, खेळ, कला आनी संस्कृती, समाज सेवा आनी साहस अशा वेगवेगळ्यां मळार असामान्य क्षमता दाखयिल्ल्या भुरग्यांक दितात. रोख 1 लाख रूपया, पदक, प्रशस्तीपत्र आनी मानाची पुस्तिका अशें ह्या पुरस्काराचे स्वरूप आसा. भारतीय नागरीक आनी भारतात राबीतो करपी 5 वर्सां पिराये वयली आनी संबंदीत वर्साच्या 31 ऑगस्टाक पिरायेची 18 वर्सां पुराय जावंक नाशिल्ली भुरगीं पुरस्कारा खातीर पात्र आसात.

बाल कल्याण पुरस्कार भुरग्यांचो विकास, सांबाळ आनी कल्याणाखातीर उत्कृश्ट योगदान दिवपी व्यक्ती आनी संस्थांक दितात. व्यक्ती खातीर रोख 1 लाख रूपया, मानपत्र, पदक, प्रशस्तीपत्र आनी संस्थां खातीर रोख 5 लाख, मानपत्र, पदक आनी प्रशस्तीपत्र अशा स्वरूपात पुरस्कार दितात. भारतीय नागरीक आनी भारतात राबीतो करपी 18 वर्सां आनी त्या वयल्या पिरायेची आनी कमीत कमी 7 वर्सांचो अणभव आशिल्ली व्यक्ती पुरस्कारा खातीर पात्र आसा.

ऑनलायन अर्ज आनी चड म्हायती खातीर www.nca.wcd.nic.in ह्या संकेत थळार पळोवचे.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/620

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA
PHONE-0832-2422675